# प्रादेशिक खबर

०५.०८.२०२५ @ ७.25 am

रश्मी 70

गोंयच्या सरकारी येवजणेचो लाव घेवपाखातीर स्वतच्या मुळ नावात बदल करपाचे प्रकार गोंयांत रावपी बिगर गोंयकार करपाविशी सुचोवणी आमदार विरेश बोरकार हांणी केली. चडश्या आमदारांनी अशा वाडट्या प्रकरणांचो ह्यावेळार हुस्को उक्तायलो. हाका जाप दितना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी आडनांव बदलपा संबंदीत सगल्या प्रकरणांचो पुराय नियाळ घेतले, आनी तरतुदींचो गैरवापर करप्यांचेर कडक कायदेशीर कारवाय जातली अशें आश्वासन दिलें. सद्याच्या कायद्या खाला आडनांवांत फटींगपणान बदल केल्यार तीन वर्सां मेरेन बंदखणीची ख्यास्त जावंक शकता अशें तांणी सांगले .

डेस्क 60

वापरा विणे पडून अशील्ल्यो सरकारी भौशिक बांधकाम आणि हेर सरकारी खात्याच्यो इमारती खास करून हेड लंड सडा हान्गाच्यो इमारती सामक्यो वायट स्तिथीत आसात आणि त्यो कोयर उडोव्पाचो आनी हेर समाज विघातक कारवाय करपाचो अडडो जाला देखून थलाव्याक भय पडला अशे शून्य वराक आमदार संकल्प अमोणकर हानी नदरेक हाडले . ताचेर जाप दितना मुखेळ मंत्र्यान हाची दखल घेतल्या आणि पावला उबारतले अशे सांगळे.byte

महेश 90

राज्यांत वीज दर वाडीचो आनी स्मार्ट मीटर लावपाचो प्रस्ताव दिवन गिरायकांक 'डबल शोक' दिवपाची सरकारान येवजण आंखल्या अशें विरोधी फुडारी युरी आलेमाव हांणी म्हणले. गोंयांत वीज दर वाडीच्या प्रस्तावाक हांव खर विरोध करतां, वीज दर वाडीक लागून गिरायकांचेर, खास करून घरगुती आनी ल्हान वेवसायांचेर गरजे भायर भार पडटलो वेपारी, उद्देगीक आस्थापनां आनी सरकारी

गिरायकां कडल्यान सुमार 600 कोटी रुपयांची देय वसूल करपाक खात्याक अपेस आयलां, वीज खात्यान हे  थकबाकी वसूल करपाचेर लक्ष केंद्रीत करचें, जाका लागून अर्थीक गरजो वेवस्थापन करपाक मदत जावंक शकता. गिरायकांक थाकाय दिवचे परस खातें लोकांच्या जिवितांतल्या अडचणींत भर घालता अशें तांणी म्हणले .

सुशांत60

दक्षिण गोंय जिल्हा पंचायतीची अध्यक्ष म्हूण अनिता थोरात बिनविरोध वेंचून आयली. आपूण आपल्या अध्यक्षपदाच्या काळात प्रशासकीय बदलाचेर भर दितली अशें थोरात हांणी ह्यावेळार सांगलें.
नावेली पंचायतीचे नवे सरपंच म्हूण पॉल परेरा हे बिनविरोध वेंचून आयले. रुमडामळ-दवर्ली पंचायतीचे सरपंच आनी उपसरपंच वेचून काडपाखातीरय बसका जावपाची आशिल्ली. मात भलायकेच्या कारणाखातीर वेंचणूक अधिकारी बसकेक हजर रावंक शकले  ना देखून  ही बसका रद्द केल्याचे साश्टीचे गटविकास अधिकारी दर्शन देसाय हांणी सांगले.
डेस्क 40

पारंपारिक मीठ काडपी आता उणे जाळ्यात ताचे कारण म्हण्ल्यार शारीकरण, कामगारांचो उणाव, व्हाळ आणि कालवे वाट लागप आणि कमी येनावळ ही आसात अशे आमदार जीत आरोलकर हानी शून्य वराक मत मांडले आणि तांका अनुदानित दरान आधुनिक माकना दीवची आणि हे  पारंपारिक मिठागर वाटोवचे अशे मागले
byte

सुभाष 90

सरकारी तशेंच अनुदानीत माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांच्या संगणक प्रयोगशाळांक उर्बा दिवपाच्या हेतान राज्य शिक्षण संचालनालयान '' म्हजी लॅब बरी लॅब ' पुरस्कार येवजण जाहीर केल्या. उणेंच तीन वर्सां जाल्ली संगणक प्रयोगाळाच ह्या पुरस्कारा खातीर पात्र आसा. ३ ते १५ संगणक आशिल्ली प्रयोगशाळा अ गटात जाल्यार १५ वा ताचेपरस चड संगणक आशिल्ली प्रयोगशाळा ब गटात आसपावता

तापमान 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या काय सुवातिनि नेटाचो  पावस पडू येता तशेच वारे 40 ते 50 किलोमीटर वेगान व्हावतले असो आदमास वेध शाळेन उकतायला

स्पोर्ट्स 40

चेनयत जाल्या अखिल भारतिय अंतर विभागीय टेनिस बोल क्रिकेट सरतित गोय्चो बायला पगड उप विजेते थारलो

गोय विद्यापिठाच्या आंतर महाविद्यालयीन तायक्वनदो सर्तीत केपेच्या सरकरी म्हाविद्यालयाची शरुफा फेर्नान्देस हाणे भागरा पदक जीकले